**कोरोना संसर्गाआड वासीन दिवपाची मोहिम सुरू जाल्ल्यान लोकांमदलो भंय कमी जावपाक मदत**

श्री. प्रकाश नाईक

म्हायती अधिकारी

ता. 21 जानेवारी 2021

देशांत कोरोना संसर्गाआड वासीन दिवपाच्या मोहिमेक सुरवात जाल्ल्यान आता लोकांमदी कोरोना दुयेंसाविशीं निर्माण जाल्लो भंय आनी ह्रसको पयस जातलो. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी 16 जानेर 2021 दिसा देशांत कोरोना संसर्गाआड वासीन दिवपाच्या मोहिमेक सुरवात केली. कोरोना दुयेंसाच्या संकटाक लागून फाटले वर्सभर लोक भिरांत आनी ह्रस्क्यान दीस काडटाले.

संवसारांत कोरोनाचो संसर्ग पातळत सावन हजारांनी लोकांक आपलो जीव वगडावचो पडलो. कोरोना दुयेंसाचेर वासीन वा वखद नाशिल्ल्यान पुराय संवसारातल्या लोकांचेर आकांत आयिल्लो. पुण निमाणे वेगळ्या वेगळ्या देशांतल्या शास्त्रज्ञांनी संशोधन करून ह्या संसर्गाआड वासीनां तयार केली. भारत देशांतल्या विज्ञानिकांनीय वर्सभर सतत संशोधन करून कोरोना संसर्गाआड वासीन तयार केले. . प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खालच्या केंद्र सरकारान आपल्या यंत्रणांक कामांक लावन वासीन तयार करपाक वखदां उत्पादन कंपन्यांक सगळें तरेन मदत केली. वैजकीय तंज्ञ आनी विज्ञानिकांच्या यत्नांक लागून आयज आमच्या देशांक हे बाबतीत परिणामकारक यश मेळिल्ले आसा.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी जाहिर केला ते प्रमाण येणाऱ्या कांय म्हयन्यांत देशांतल्या 30 कोटी लोकांक वासीन दिवपाची मोख आसा. देशांत कोरोना वासीन दिवपाची मोहिम सुरू करचे पयली प्रधानमंत्र्यानी सगळीं राज्यां आनी संघप्रदेशांचे मुख्यमंत्री आनी प्रशासकां वांगडा व्हिडिओ कॉन्फरंन्सिग वरवीं चर्चा करून कार्यक्रमाची आखणी केली.

16 जानेराक सुरू जाल्ली कोरोना लसीकरण मोहिम तीन टप्प्यांनी पुर्ण करतले आनी ह्या तीनय टप्प्यांनी तीन कोटी भलायकी कर्मचारी आनी फ्रंटलायन वर्करांक वासीनां दितले. पयल्या टप्प्यात सरकारी आनी खाजगी क्षेत्रांतले भलायकी कर्मचारी, सफाई कर्मचारी, पुलीस, अर्दसैनिक जवान, गृहरक्षक आनी महसूली अधिकाऱ्यांक वासीन दिले. भारता सयत वेगळ्या वेगळ्या देशांनीय कोवीड संसर्गाचेर

वासीन दिवपाक सुरवात जाल्ली आसा. दुसऱ्या टप्प्यात 50 वर्सां पिराये वयले आनी हेर दुयेंसां आशिल्ल्या नागरीकांक वासीन दितले.

उर्वरीत देशाप्रमाण गोंयांतय 16 जानेराक पयल्या टप्प्यात भलायकी कर्मचाऱ्यांक वासीन दिवपा खातीर सरकारान भलायकी सेवा संचालनालया मार्फत सगळीं तयारी करून वासीन दिवपाची कार्यावळ यशस्वी केली. राज्यांतल्या निवडक सात केंद्रांचेर मेळून सुमार 426 भलायकी कर्मचाऱ्यांक कोवीशील्ड वासीनाचो पयलो डोज दिलो. देशांत वासीन दिवपाच्या मोहिमेक सुरवात जाल्ल्यान लोकांच्या मनातलो भंय कांय प्रमाणात पयस जाला.

भारत देशांतल्या एक कोटी परस चड लोकांक कोरोना संसर्गाची बाधा जाली आनी 1.5 लाख लोकांक कोरोनान मरण आयले. आयज कोरोना संसर्गाआड वासीन दिवपाच्या मोहिमेक सुरवात जाल्ल्यान लोकांमदलो भंय आनी हुसको नक्कीच कमी जाला हांतूत दुबाव ना. तशेंच म्हामारीचेर नियंत्रण दवरपाक शक्य जाल्ल्यान अर्थ वेवस्थेचो मार्ग उक्तो जाला. म्हत्वाचे म्हळ्यार जांका वासीनां दिल्यात तांचेर देखरेख दवरपा खातीर डिजिटल प्लॅटफॉर्म तयार केला.

आयज जरी कोवीड संसर्गाआड वासीन उपलब्ध जाल्ले आसले तरी आमी घाळ रावपाक फावना. आमी आवश्यक काळजी घेवपाची गरज आसा. आमी मास्क वापरप, सोशल डिस्टन्सिंग पाळप, सॅनिटायजर वापरप गरजेचे आसा. आनी सगळ्यात म्हत्वाचे म्हळ्यार कोवीड वासीनाच्या परिणामाविशीं पातळावपात येवपी कसल्याय अफवांक बळी पडचे न्हय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/98

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji